18 May 2025 सकाळी - 8.40

## आकाशवाणी पणजी केंद्रांच्या

## प्रादेशिक खबरा विभागवरवीं

### मुखेल खबरो

- आतंकवादाक फुडो करपाक, भारताचो संकल्प संवसारामुखार दवरपाखातीर, सात सर्वपक्षीय प्रतिनिधी मंडळां, मुखेल राश्ट्रां कडेन संपर्क सादतली.
- केंद्रीय घर मंत्री अमित शाहा हाणी, ऑपरेशन सिंदूर हे भारताच्या सुरक्षा सिध्दांतांतले, एक महत्वाचे पावल आसा, अशे म्हूण तोखणाय केल्या.
- बांगलादेशांतल्यान भारतांत कांय वस्तू आयात करपाचेर, परराश्ट्र वेपार महासंचालना-लयान, नवे बंदर निर्बंध लागू केल्यात.
- आंतरराष्ट्रीय संग्रहालय दीसा निमतान, आयज देशभरांतल्या पुरातत्व सर्वेक्षण विभागाची स्मारकां आनी संग्रहालयांनी, प्रवेश फुकट आसतलो.
- आयपीएल क्रिकेटीत, रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरू वांगडची मॅच रद्द. कोलकाता नाईट रायडर्स सर्तींतल्यान भायर.

---------------------------------

किरेन रिजिजू -

आतंकवादाक फुडो करपाक, भारताचो संकल्प संवसारामुखार दवरपाखातीर, ऑपरेशन सिंदूर खाला बेगीनूच, सात सर्वपक्षीय प्रतिनिधी मंडळां मुखेल राश्ट्रां कडेन संपर्क सादतली, अशें संसदीय वेव्हार मंत्री किरेन रिजिजून जाहीर केलां. हे पावलं म्हळ्यार, आतंकवादा विरोधांत भारताच्या सामुहीक संकल्पाचें प्रतिबिंब आसा. सोशल मिडियाचेर मंत्री रिजिजू हाणी एकवटीत आघाडीचें प्रतिनिधित्व करपी 59 खासदार आनी प्रतिनिधी मंडळांची वळेरी शेअर केल्या. ते वट्ट 32 देशांक आनी बेल्जियमांतल्या ब्रुसेल्सांतल्या, युरोपीय संघटनेच्या मुखेल कार्यालयाक भेट दितले.

--------------------------------

घर मंत्री अमित शाहा -

केंद्रीय घर मंत्री अमित शाहा हाणी, ऑपरेशन सिंदूर हे भारताच्या सुरक्षा सिध्दांतांतले एक महत्वाचे वळण आसा, अशे म्हूण तोखणाय केल्या. गुजरातांतल्या गांधीनगरांत जाल्ले भौशीक बसकेंत उलयतना तांणी सांगलें, कि ऑपरेशन सिंदूरांक लागून, भारताच्या राश्ट्रीय सुरक्षा प्रतिसादांत इतिहासीक बदल जाला. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या निर्णायक फुडारपणा खाला, भारतीय सशस्त्र दळांनी पाकिस्तानाच्या वाठारांत, वचून आतंकवादाची मुळा मोडून उडयली, हांचेर मंत्री शाहा  हाणी भर दिलो. घर मंत्र्यांनी सांगले की, स्वातंत्र्या उपरांत पयलेच खेपे, आमच्या सैन्यान पाकिस्तानात, १०० किलो मीटर भितर प्रवेश केलो  आणि दहशतवादी तळा उद्ध्वस्त केली.

--------------------------------

बांगलादेश इम्पोर्ट

बांगलादेशांतल्यान भारतांत कांय वस्तू आयात करपाचेर, परराश्ट्र वेपार महासंचालना-लयान नवे बंदर निर्बंध जाहीर केल्यात. बांगलादेशांतल्यान भारतांत येवन उपरांत, नेपाळ आनी भूतानाक वचपी म्हालांचेर हे निर्बंध लागू जावचे नात, अशें केंद्रीय वाणिज्य आनी उद्देग मंत्रालयान अधिसुचोवणेंत स्पश्ट केलां. अधिसुचोवणे वरवीं जारी केल्लो हो निर्देश रोखडोच लागू जाला. बांगलादेशांतल्यान सगळ्या प्रकारच्या रेडीमेड कपड्यांची, बंदरां वरवीं आयात करपाक बंदी आसतली. पूण, अजूनय ह्या मालाक न्हावा शेवा आनी कोलकाता ह्या दर्या बंदरां वयल्यान, परवानगी दितले. ते भायर फळां, फळांची रूच आशिल्लीं आनी कार्बोनेटेड पेयां, प्रक्रिया केल्ल्यो खाणां-जेवणाच्यो वस्तू, कापूस आनी कापसाच्या सुतांचो कोयर, प्लास्टीक आनी लाकडी फर्निचर हांचे आयातीचेर मर्यादा घालतले.

--------------------------------

संग्रहालय दीस

आंतरराष्ट्रीय संग्रहालय दीस मनोवपा खातीर, आयज देशभरांतल्या सगल्या एएसआय स्मारकांक आनी संग्रहालयांनी, प्रवेश फुकट आसतलो, अशें भारतीय पुरातत्व सर्वेक्षणान जाहीर केलां. केंद्रीय संस्कृताय मंत्रालयान पुष्टी केल्या, की एएसआय आपली 52 स्थळ संग्रहालया आनी सगळ्यो तिकेट आशिल्लीं स्मारकां लोकांक फुकट पळोवपाक उक्तीं करता. लोकांच्या व्यापक सहभागाक, प्रोत्साहन दिवपाचो हाचो हेत आसा.

--------------------------------

इसरो

आयज सकाळीं 5 जावन 59 मिनिटांचेर, आंध्र प्रदेशांतल्या श्रीहरिकोटा वयल्यान, पृथ्वी निरिक्षण उपग्रह ईओएस-09 वरवीं उड्डाण केल्ल्या, PSLV- C61 रॉकेटाच्या, प्रक्षेपणाच्या तिसऱ्या टप्प्यांत तंत्रीक समस्या निर्माण जाली. तंत्रीक समस्या निर्माण जावपी कारणांचे विश्लेशण करतले, अशें इसरोचे अध्यक्ष डॉ व्ही नारायणन हांणी सांगलें.

--------------------------------

जम्मू आणि काश्मीर माजी सैनिक -

समुदाय आदारीत सुरक्षा घटमूट करपाचे दिकेन आनी आदल्या लश्करी कर्मचाऱ्यांच्या क्षमतांचो, फायदो घेवपाच्या मुखेल पांवड्यार जम्मू आनी काश्मीर सरकारान, केंद्रशासित प्रदेशांतल्या गंभीर मुळाव्या साधनसुविधांचे संरक्षण करपा खातीर, माजी सैनिकांची नेमणूक करपाक मान्यताय दिल्या. जम्मू-कश्मीर सैनीक कल्याण मंडळान, पुराय केंद्रशासित प्रदेशांतल्या म्हत्वाच्या मुळाव्या साधनसुविधांची राखण करपा खातीर, माजी सैनिकांक एकठांय करपाचो प्रस्ताव मांडला. ह्या प्रस्तावाक आतां जम्मू-कश्मीर सरकारान, औपचारीक मान्यताय दिल्या. ताका लागून नागरी अधिकाऱ्यां मदीं सहकार्याची माची तयार जाल्या. मान्यताय मेळिल्ल्या येवजणे प्रमाण, ह्या उपक्रमा खातीर 4 हजार माजी सैनिक स्वयंसेवकांची वळख जाल्या. तातूंत 435 व्यक्तीं कडेन परवानो आशिल्लीं वैयक्तीक शस्त्रां आसात, जाका लागून थळाव्या सुरक्षा परिस्थितीक प्रभावीपणान प्रतिसाद दिवपाची तांक वाडटली.

---------------------------------

**पंजाब गुड्स अफगाणिस्तान**

**अफगाणिस्तानांतल्यान, सुको मेवो आनी जडीबूटी व्हरपी, 18 ट्रक फाटल्या दोन दिसांत, अट्टरी-वागाह इंटीग्रेटेड चेक-पोस्ट वरवीं भारतांत, आयल्यात. अधिकृत सुत्रांनी सांगलें, कि शेनवारा 12 ट्रक आनी शुक्रारा 6 ट्रक भितर सरले. अफगाणिस्तानांतल्यान नाशवंत वस्तू व्हरपी आनीक कांय जाण, 23 एप्रील सावन अजूनय, पाकिस्तान वटेन चेकपोस्टार आडखून पडल्यात. सध्या भारत आनी अफगाणिस्तान हांचे मदलो हो एकूच वेपारी मार्ग आसा आनी ह्या चेकपोस्टाक फकत, अफगाणिस्तानांतल्यान आयात करपाची परवानगी आसा.**

---------------------------------

**दिल्ली अपघात**

**राष्ट्रीय राजधानी दिल्लीच्या, पहाड़गंज वाठारांत काल सांजवेळार बांदकाम चालू आशिल्ली इमारत कोसळ्ळी. तातूंत तीन जाणांक मरण आयलें. उजो पालोवपी दळाचे सहाय्यक विभागीय अधिकारी मनीष कुमार हांणी मरण आयिल्ल्याविशी म्हायती दिल्या.**

---------------------------------

**मणिपूर**

**सोशल मिडियाचेर पातळिल्ल्या व्हिडियो संबंदी, मणिपूर पुलिसांनी कुकी स्टुडंट्स ऑर्गनायझेशन, दिल्ली चॅप्टर अध्यक्ष, पाओजा-खुप गुइटे हाचे आड एफआयआर नोंद केल्या. ह्या व्हिडियो फुटेजांत गुइटे, रस्त्यार जावपी मेळाव्याक संबोधीत करतना दिसता आनी कुकी चड आशिल्ल्या वाठारांनी, मेईतेई समाजाच्या हालचालीचेर निर्बंध घालपाचो उलो मारता. मेईतेई समाजान, उखरूल जिल्ह्यांतल्या राज्य शिरुई महोत्सवा खातीर, येवपाची येवजण आंखल्या उपरांत, हो व्हिडियो व्हायरल जालो.**

---------------------------------

AGRICULTURE MINISTER – NAGPUR

केंद्रीय कृशी मंत्री शिवराज सिंग चौहान आयज दनपारां नागपूरांतल्या सुरेश भट सभाघरांत विकसित कृशी विशीं भागधारकांच्या सल्लामसलती वेळार महाराष्ट्रांतल्या विदर्भ वाठारांतल्या शेतकारां कडेन संवाद सादतले. मुख्यमंत्री देवेंद्र फडणवीस हेय कार्यावळीक हाजीर आसतले. उपरांत श्री चौहान भारतीय शेतकी संशोधन मंडळ (आयसीएआर), राज्य शेतकी खातें, आनी राज्य शेतकी विद्यापिठाच्या अधिकाऱ्यां वांगडा नियाळ बसका घेवन ह्या वाठारांत शेतकी आनी ग्रामीण उदरगत येवजनांच्या अंमलबजावणीचेर चर्चा करतले.

नागपूरच्या तांच्या एका दिसाच्या दौऱ्यादरम्यान, भेटी वेळार केंद्रीय मंत्री नागपूरांतल्या नॅशनल ब्युरो ऑफ सोइल सर्वे अँड लँड यूज प्लॅनिंग (NBSSLUP) आनी ICAR हांच्या सहकार्यान विकसित केल्ल्या डिजिटल शेतकी मळार एक अग्रगण्य उपक्रम आशिल्ल्या नॅशनल सोइल स्पेक्ट्रल लायब्री (NSSL) चे उक्तावण करतले. तशेंच कापसाच्या पिकांचेर परिणाम करपी मुखेल कीड pink बोलवर्म खातीर एआय आदारीत स्मार्ट ट्रॅप केंद्रीय मंत्री लाँच करतले.

---------------------------------

IPL

IPL क्रिकेट सर्तींत आज राजस्थान रॉयल्स आनी पंजाब किंग्स ह्या पंगडा मदि जयपूरच्या सवाई मानसिंह स्टेडियमांत दनपारां 3:30 वरांचेर खेळ जातलो, जाल्यार यजमान दिल्ली कॅपिटल्स आनी गुजरात टायटन्स हांचे मदीं दिल्लीच्या अरुण जेटली स्टेडियमांत सांजवेळा 7:30 वरांचेर match सुरु जातली.
गतविजेतो कोलकाता नाईट रायडर्स आयपीएल २०२५ तल्यान भायर पडला कारण काल सांजवेळार एम. चिन्नास्वामी स्टेडियमचेर मुसळधार पावसाक लागून यजमान रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरू आडचो खेळ नाणेफेक न करता रद्द केलो.

हाका लागून आरसीबी 12 मॅचींनी 17 गूण मेळोवन पॉइंट टेबलात पयल्या क्रमांकाचेर पावली, जाल्यार गुजरात टायटन्साक 11 मॅचींनी 16 गूण आनी पंजाब किंग्साक 11 मॅचींनी 15 गूण मेळ्ळ्यात. पूण केकेआर आनी आरसीबी हे दोनूय पंगड अजूनय दरेकीं एक मॅच खेळटले.

13 मॅचींनी 12 गूण मेळोवन केकेआर आतां प्लेऑफ सर्तींतल्यान भायर पडला आनी सनरायझर्स हैदराबाद- आड ताची निमाणी लीग मॅच आतां फकत एक औपचारिकता आसा.

--------------------------------

FOOTBALL- SAFF U19

सॅफ अंडर-19 फुटबॉल चॅम्पियनशिपाची फायनल आयज भारत आनी बांगलादेश हांचे मर्दीं जातली. अरुणाचल प्रदेशांतल्या युपिया हांगा ही मॅच सांजवेळा 7 वरांचेर सुरु जातली. भारतान मालदीव्साक हारयलो आनी बांगलादेशान नेपालाक हारयलो आनी फायनलींत प्रवेश केलो.

सॅफ अंडर-19 फुटबॉल चॅम्पियनशिपांत भारत आनी बांगलादेश हांचे मर्दीं आतां मेरेन खेळिल्ल्या चारय मॅचींत भारतान जैत मेळयलां.

--------------------------------

आयएमडी हवामान

भारतीय हवामान खात्यान आयज आसाम, मेघालय आनी दक्षिण कर्नाटकांत व्हडा प्रमाणात पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. आयज त्रिपुरा, अरुणाचल प्रदेश, दर्यादेगेवेलो कर्नाटक, केरळ, तमिळनाडू, पुडुचेरी, तेलंगणा, दक्षिण मध्य महाराष्ट्र, अस्तंत बंगाल, सिक्किम आनी बिहारांत घोग्यांनी पावस पडपाची शक्यताय आसा. तशेच मराठवाडा, गुजरात, कोंकण आनी गोंयात लेगीत गडगड, जगला संयत, वादळी वारें व्हवून काय सुवातांनी मध्यम प्रमाणात पावसाचो अदमास आसा. जम्मू, उत्तर प्रदेश, राजस्थान आनी उत्तर मध्य प्रदेशांत, उश्णतायेचे ल्हार पातळपाची शक्यताय आसा. आयज उदेंत मध्य प्रदेशांत रातची उश्णताय आसतली, असोय अदमास आयएमडीन उक्तायला.

---------------------------------

आता खबरो सोपोवच्या आदी, परतून एक फावट आयच्यो मुखेल खबरो

- आतंकवादाक फुडो करपाक, भारताचो संकल्प संवसारामुखार दवरपाखातीर, सात सर्वपक्षीय प्रतिनिधी मंडळां, मुखेल राश्ट्रां कडेन संपर्क सादतली.
- केंद्रीय घर मंत्री अमित शाहा हाणी, ऑपरेशन सिंदूर हे भारताच्या सुरक्षा सिध्दांतांतले, एक महत्वाचे पावल आसा, अशे म्हूण तोखणाय केल्या.
- बांगलादेशांतल्यान भारतांत कांय वस्तू आयात करपाचेर, परराश्ट्र वेपार महासंचालना-लयान, नवे बंदर निर्बंध लागू केल्यात.
- आंतरराष्ट्रीय संग्रहालय दीसा निमतान, आयज देशभरांतल्या पुरातत्व सर्वेक्षण विभागाची स्मारकां आनी संग्रहालयांनी, प्रवेश फुकट आसतलो.
- आयपीएल क्रिकेटीत, रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरू वांगडची मॅच रद्द. कोलकाता नाईट रायडर्स सर्तींतल्यान भायर.

---------------------------------